# भारतीय संस्कृतीत नितळसाणेक खास म्हत्व -राज्यपाल

ता. 9 जानेवारी 2018

19 पौष 1939

भारतीय संस्कृतीन सदाच नितळसाणेक खास म्हत्व दिला. आमच्या प्रत्येक रितीरिवाज आनी परंपरेत आमी स्वताच्या आनी सरभोवताणच्या नितळसाणेचेर भर दिल्लो आसा. आमी आमच्या जीणेशैलीचो भाग म्हुण भारत देश नितळ करपाक जाय, अशें गोंयची राज्यपाल डॉ. मृदुला सिन्हा हांणी लाकसा-वारणासी हांगा मारवाडी युवा संघान आयोजित केल्ल्या कार्यक्रमात राष्ट्रीय स्वच्छता अभियानाचो शुभारंभ केले उपरांत उलयताना सांगलें.

श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी स्वच्छ अभियानाखातीर आपलो संदेशक म्हुण मारवाडो युवा मंचाची नेमणूक करून प्रत्येक नागरीकांन नितळसाणेक पयले प्राधान्य दिवपाचो उलो मारलो. भारतासारख्या व्हड देशात स्वता नितळसाण दवरून नितळसाण राखप  शक्य आसा, न्हय कोयराचो पसारो करून. सध्या खंयचीच सामाजीक समस्या आमच्या जेष्ठ नागरीकांच्या सल्ल्यान सोपेपणी सोडवप शक्य आसा, अशें सांगून श्रीमती सिन्हा हांणी मारवाडी युवा मंचाच्या कार्याची तोखणाय केली. ह्यावेळार आयोजन समितीवतीन डॉ. मृदुला सिन्हा हांचो सन्मान केलो.

मारवाडी युवा मंचाच्या राष्ट्रीय स्वच्छता अभियानाची म्हायती दितना आदले राष्ट्रीय अध्यक्ष के. जजोदिया हांणी राष्ट्रीय नितळसाणेचे व्हड उद्दीश्ट पूर्ण करपाखातीर मोहिमेची संकल्प, संपर्क, सहजताय, स्वाभिमान आनी सन्मान अशा पाच सुत्रांनी विभागणी करतले, अशें सांगलें.

स्वच्छता अभियानाच्या पयल्या टप्प्याच्या कार्यक्रमात एक लाख लोकांक नितळसाणेचो सोपूत दितले. ह्या वेळार मारवाडी युवा संघाचे अध्यक्ष श्री. रवी अगरवाल आनी राष्ट्रीय नितळसाण निमंत्रक श्री. सुभाष वर्मा हांचो संदेश वाचलो.

राज्यपाल डॉ. मृदुला सिन्हा हांचे हस्तूकीं स्वच्छता अभियानाच्या तीन पोस्तरांचे उक्तावण जालें. तशेंच स्वच्छता अभियानाक योगदान दिल्लें खातीर सनबीन एज्युकेशन ग्रुपचे अध्यक्ष श्री.दिपक मधोक, श्रीनगर कॉलनी समितीचे श्री. अनुप सराफ आनी कांय स्वच्छता अभियान सेवकांचो सन्मान केलो.

ह्या वेळार विजय मोदी, पवन अग्रवाल, अनिल अग्रवाल, अभय अग्रवाल, नितू मुरका, पूजा लोहिया, शिला जयपुरिया आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्लें.